*काणी*

**– बाळकृष्णजी कानोळकार**

म्हाका एक काणी येता: तुका
ती सांगची म्हुणटां
साठां उतरांची: बत्तीस लक्षणांची: छत्तीस गुणांची: सुफळ देणी:
संपूर्ण ती. काणयेंत –


एक आसता राजा आनी
एक आसता राणी.
उतरांच्या सोदांत हांव आनी
कुंवराच्या सोदांत काणी.

सोद सोद सोदलें...
आरतून परतून सोदलें...
वयर सकयल सोदलें...
आदलें मदलें सोदलें...
फार्टी फुडें सोदलें...
आशिकुशीं सोदलें...
भायर भितर सोदलें...
आयज फाल्यां सोदलें...

सोदतां सोदतां जाली रात:

पयलो चंद्रीम उदेलो...
दुसरो चंद्रीम उदेलो...
तिसरो चंद्रीम उदेलो...
चवथो चंद्रीम उदेलो...
पांचवो चंद्रीम उदेलो...
अशें पंचीय चंद्रीम उदेलें.

अशे पंचिय चंद्रीम उदेले...
आनी अष्टमीचो चंद्रूय मावळलो.



परती परती जाली रात.
आरती परती जाली वात.

परते परते परते परते
पंचिय चंद्रीम उदेले.
पंचिय चंद्रीम मावळळेय.

एकूय पर रतलो ना.
एकूय मेलो रुजलो ना.
एक्क रात फळ्ळी ना.
एक्क काणी कळ्ळी ना.

परत्यो परत्यो राती आयल्यो
आरत्यो परत्यो गेल्यो
परत्यो परत्यो वाती वळ्ळयो
सार सार सारल्यो.

सपन सपनेता: काणी वथरेता:
एक आशिल्ली राणी:
आनी...
कुंवराचो सोद लागचो आसा.

म्हाका एक काणी कुंभा: तुका
खबर आसा नामो?... म्हज्या
राजकुंवराचो: काणयेंतल्या: जिर्णेतल्या:
ना...ना : तर... तर
तूंच कित्या जायना तो
काणयेंतलो राजकुंवर म्हजे?